२४.10.२०२५ 7.20 pm

- गोंय सरकारान 2 ओक्टोबर 2020 वर्सा राज्यात स्वयंपुर्ण गोंय हो उपक्रम चालीक लायला
- गोंय मंत्रीमंडळान इन्व्हेंट्री नाशिल्ल्या खण डंपांचो अधिकृत इन्व्हेंट्रींत आस्पाव करपाचो निर्णय आयज जिल्ल्या मंत्रीमंडळाच्या बसकेत घेतला.
- फीडे चेस वल्ड चेम्पियनशिप गोंयांत 31 ऑक्टोबर ते 27 नोव्हेबर ह्या काळात जाता
- गोंयची सरकारी नोकर भरती प्रक्रिया पुरायपणान वेवस्थित करपाच्या नदरेतल्यान सरकारान महत्वाचे निर्णय घेतल्यात अशें मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी म्हणला

Rashmi 55

गोंय सरकारान 2 ओक्टोबर 2020 वर्सा राज्यात स्वयंपुर्ण गोंय हो उपक्रम चालीक लायला. फाटल्या पाच वर्सात गोंय सरकारान ह्या उपक्रमावरवी केल्लया कामाचो नियाळ दिवपी स्वयपुर्ण गोंय ची पुस्तिका आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हंच्य हस्तुकी लॉच जाली. स्वयपुर्ण मित्रांनी प्रसासकीय सेवा लोकांमदी पावोवन लोकांच्या जीणेत कसो बदल केला तांची म्हायती दिवपी सक्सेस स्टोरींचो ह्या पुस्तिकेत आसपाव आसा.

Rashmi 50

गोंय मंत्रीमंडळान इन्व्हेंट्री नाशिल्ल्या खण डंपांचो अधिकृत इन्व्हेंट्रींत आस्पाव करपाचो निर्णय आयज जिल्ल्या मंत्रीमंडळाच्या बसकेत घेतला. ह्या निर्णया उपरांत आता सरकाराकgoa mining policy 2013 वर्साच्या नियंत्रीत मार्गदर्शक तत्वां खाला ह्या डंपांचें मुल्यांकन, वेवस्थापन आनी संभाव्यपणान लिलाव करपाक मेळटलें अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी मंत्रीमंडळाच्या बसकेउपरांत घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार दीला. Byte

Rashmi 90

फीडे चेस वल्ड चेम्पियनशिप गोंयांत 31 ऑक्टोबर ते 27 नोव्हेबर ह्या काळात जाता. हे फांटभुयेर आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी चॅम्पियनशिपाच्या तयारेची वेगेवगळ्य खात्याच्या मुखेल्यांनी बसका घेंवन नियाळ घेतलो. चॅम्पियनशिपाचे उक्तावण सुवाळो श्यामा प्रसाद मुखर्जी स्टेडीयमाचेंर सांजेच्या 4 वराचेंर जातलो. जाल्यार सर्ती बार्देश ताल्क्यातल्या हडफडे गांवात रियो रिसोर्ट हांग जतल्यो. ह्या चॅम्पियनशिपात 83 देशांतले 206 प्रतिनिधी वाटो घेतले. भारताताले 24 बुध्दीपळ खेळगडी ह्य सर्तीत वाटो घेतले. जांका ही सर्त पळोवपाक जाय त्या बुद्दीबळ मोग्यांनी ऑनलायन माध्यमातल्यान ह्या सर्तीच्या वेबसायटीचेंर नाव नोंदण करची अशे मुखेलमंत्र्यान कळीत केला.

सुभाष 40
काणकोण तालुक्यातली उदरगतीची सगळी कामां पुराय जातली अशें संस्कृती मंत्री रमेश तवडकर हांणी सांगला. ते काल आगोंद ते चार रस्ता मेरेनच्या हॉट मिक्सींग प्रकल्पाचे उक्तावण केले उपरांत उलयताले. आगोंद गाव पर्यटनाच्या नदरेन म्हत्वाचो आसा आनी ह्या गावंची उदरगत प्राधान्यान सुरू करतले अशे तांणी सांगले byte

DIP 90
25 ऑक्टोबर क सकाळी 6.30 ते 8.00 वरां मजगती बांबोळी बीच, सांजेची 4.30 ते 6.00 वरा मजगती मिरामार बीच, विज्ञान केंद्रा सामकार आनी 26 ऑक्टोबरक सकाळी 6.30 ते 8.00 वरां मजगती बांबोळी बीच वाठारांत पेंवपा प्रशिक्षण सत्र आयोजीत केला. ते खातीर न्हंय/दर्या वाठारांत येरादारी करपी सगळ्यों बोटी, उदकाखेळ बोटी, पनेळ, फेरीबोटीं, नुस्तेमारी बोटीं आनी हेर यांत्रिकीं आनी बिनयांत्रिकीं नाविकांनी पेंवपा प्रशिक्षणाक कसलीच आडखळ येवची न्हय म्हुण वयल्या काळांत बारीक नदर दवरून, सावकास येरादारी करची आनी गरज पडली जाल्यार सुरक्षीत अंतराचेर थांबचे. तशेंच गस्तीचेर आशिल्ल्या बोटीवयल्यान तांबडो बावटो दाखोवन दिवपी सुचोवण्यांक पाळो दिवचो, अशें कॅप्टन ऑफ पोर्टस् खात्यान कळीत केला.

Rashmi 140
गोंयची सरकारी नोकर भरती प्रक्रिया पुरायपणान वेवस्थित करपाच्या नदरेतल्यान सरकारान महत्वाचे निर्णय घेतल्यात अशें मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. वेगवेगळ्या खात्यां खातीर जायत्यो चांचण्यो करचे परस आतां सगळ्यो नोकऱ्यो एकाच ऑनलायन परिक्षे वरवीं जातली. शिक्षणीक आनी राबित्याची गरजे वांगडाच उमेदवारांनी सरकारी पदां खातीर पात्रताय मेळोवपा खातीर कोंकणी भाशेचो पेपर पास करचो पडटलोअशए मुखेलमंत्र्यान स्पश्ट केला. अर्जदाराक वैध 15 वर्सांचो गोंय राबितो प्रमाणपत्र आसलो तरी कोंकणी परिक्षा क्लियर केल्या बगर तो नोकरे खातीर पात्र थारचो ना अशें मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार कळीत केला.

मुखेलमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी पर्वरी मंत्रालयांत कर्मचारी निवड आयोगान आयोजीत केल्ल्या नॅशनल रोजगर मेला वरवी कनिश्ट स्टेनोग्राफर, प्रोग्रामर आनी तंत्रीक सहाय्यक पदाचेर सुमार 50 उमेदवारांक नेमणूक पत्रां दिलीं. ह्यावेळार वीज मंत्री सुदीन ढवळीकार, समाज कल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाई, खेळां मंत्री रमेश तवडकर, मुखेल सचीव डॉ.व्ही.कांडावेलू, पुलिस म्हासंचालक आलोक कुमार तशेंच माहिती आनी प्रसिध्दी खात्याचे सचीव सरप्रीत सिंग गिल हाजीर आशिल्ले. Byte

सुभाष 80
भारत सरकारान युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्रालयान सरदार वल्लभभाई पटेलाच्या १५० व्या जयंती दिसा निमतान ३१ ऑक्टोबर ते १५ नोव्हेंबर २०२५ मेरेन सरदार@150 - पदयात्रा -द युनिटी मार्च आयोजित करपाचे थारायला. ह्या निमतान निबंद सर्त, एक था सरदार पॉडकास्ट मालिका, ऑनलायन क्विझ आनी राष्ट्रीय रील सर्त घडोवन हाडटले.

ह्या सर्तीनी गोंयकार विद्यार्थ्यांनी व्हडा संख्येन वांटेकार जावंचे अशे राज्य खेळा संचालनालयान मागला.विद्यार्थ्यांनी तशेच एनएसएस स्वयंसेवकांनी mybharat.gov.in पोर्टला वरवीं वांटो घेवचो अशें आवाहन राष्ट्रीय सेवा योजना महाराष्ट्र आनी गोवा विभागाचे संचालक अजय बा. शिंदे हांणी मागला.

सुभाष REPEAT 70

पांचवेंत शिकपी अनुसुचीत जमातीच्या विद्यार्थ्यां खातीर पूर्व-मॅट्रीक शिश्यवृत्ती येवजणे खाला मुख्यमंत्री शिश्यवृत्ती पोर्टलाचेर अर्ज सादर करपाची वेळ आदिवासी कल्याण संचालनालयान वाडयल्या. आता अर्ज सादर करपाची निमाणी तारीक ३० नोव्हेंबर २०२५ अशी आसा. आयएनओ पातळेचेर सत्यापनाची निमाणी तारीक १५ डिसेंबर दिसा जाल्यार जिल्लो पातळेचेर सत्यापना खातीर निमाणी तारीक ३१ डिसेंबर २०२५ दिसा

सरकारी आनी अनुदानीत माध्यमिक शाळांच्या मुखेल्यांनी हाची नोंद घेवंची आनी विद्यार्थ्यांक तशी म्हायती पावोवंची अशें आवाहन शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे हांणी केलां.

NSD 90

पवित्र छठ महोत्सवाची तयारीन देशभरांत उत्साहाचे स्वरूप आयला. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी नागरिकांक श्रध्दा आनी संस्कृतीक एकचाराच्या भावनांनी छठ आयीक समर्पीत केल्लीं भक्तीगीतां सामायिक करपाचो उलो मारला. सोशल मिडियाचेर दिल्ल्या संदेशांत प्रधानमंत्र्यान छठ महोत्सवाचो सैम आणि संस्कृतीकडे आशील्लो घट्ट संबंध अधोरेखित केला आनी बिहार सयत देशभर चालू आशिल्ल्या जोशपूर्ण तयारीचो उल्लेख केलो. मोदी यांनी नागरिकांक छठ महोत्सवाचो उत्साह आणि अध्यात्मिकतेचे दर्शन घडोवपी भक्तिगीता धाडपाचे आवाहन केला. पुजे कडेन संबंदीत गितां म्हजे कडेन सामायिक करपाची विनंती करतां. फुडल्या कांय दिसांनी तीं गितां सगळ्या देशांतल्या लोकां कडे सामायिक करतलो अशे प्रधान मंत्र्यान म्हणला

सुशांत 90

खेळ तियात्रचो बापुय म्हणून जांका वळखतात ते सर्गेस्त रूजारियो रॉड्रिग्ज हांचो जल्म दिस आयज गोवा तियात्र अकादमी वतीन व्हड दबाज्यान मनयलो. आयज मडगाव रवींद्र भवन हांगा जाल्या सुवाळ्यात मेक्सी परेरा आणि मारिया गोम्स या दोन म्हालगड्या खेळ तियात्र कलाकारांक खेळ तियात्र पुरस्कार भेटयले. कला आणि संस्कृती मंत्री रमेश तवडकर हे ह्यावेळार मुखेल सोयरे म्हणून हाजिर आसले.तियात्र हो समाजाचो हारसो असे म्हणत हे माचयेचो सामाजिक व्यासपीठ म्हणून बरो उपेग जावचो अशे तवडकार हाणी म्हळे.

ह्या वेळार मिनीन फर्नांडीस, विलियम फर्नांडीस, विली सिल्व्हेरा आनी नेटी फर्नांडिस या तियात्रिस्ताच्या तियात्र पुस्तकांचे प्रकाशन जाले.

आरबीआय 35

ओनलायन पैशे फटवनुकीत वा ख्च्च्याय कंपनीन गुंतवणुकीत चड परतावो दिता म्हण गायब जावप व फटीच्या येवजण्याणी पैशे बुडप ह्या सारक्या फटवनुकीची कागाळ आता सचेत पोर्टलाचेर करू येता. सचेत.RBI.ORG.IN ह्या संकेतथळार कागाळ नोंद्द करू येता अशे आरबीआयन सांगला

जीएसटी 35

जीएसटी बचत महोत्सव 22 सप्टेंबर सावन सुरू जालो स्टेशनरी क्षेत्रांतल्या नव्या जीएसटी दरांक लागून पेन्सिल, शार्पनर, क्रेयॉन, व्यायाम पुस्तकां, ग्राफ पुस्तकां, नकाशे आनी चार्ट कर मुक्त केल्यात, जीं वस्तू पयलीं 12 टक्के कर स्लॅबांत आशिल्लीं.

Sports

२०२५ त बहरीनात जाल्या आशियाई युवा सर्तीत भारतान वर्चस्व गाजोवपी कबड्डीचो दोट्टी खेळ पुराय केलो जातुन १८ वर्सा सकयल्या दोनुय पंगडान अपराजित रावुन भांगरापदक जिंकले.

वेदर 60

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 31.2  डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 24.6  डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी मध्यम ते व्ह्डा प्रमाणात पावस पडू येता